# Panaji regional news 29.06.2025, 7.20pm

## मान की बात

भलायके सावन समाजीक सुरक्षा मेरेन देश दर एका मळार संतृप्तीची भावना घेवन मुखार वता, जें समाजीक न्यायाचेंय एक व्हड चित्र आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्पश्ट केलां. सध्या भारतांतली चडशी लोकसंख्या एका वा दुसऱ्या समाजीक संरक्षण फायद्याचो फायदो घेता अशें तांणी सांगलें.आयज आकाशवाणीच्या मान की बात कार्यावळींत आपले विचार सांगतना श्री मोदी हांणी आंतरराष्ट्रीय कामगार संघटनेच्या आय एल ओ अहवाला विशीं उलयलें, जंय भारतांतल्या 64 टक्क्यां परस चड लोकांक आतां कांय समाजीक संरक्षण फायद्याचो वा दुसऱ्याचो फायदो निश्चीतपणान मेळटा असो उल्लेख केला.डब्ल्यू. एच. ओन भारत ट्रॅकोमा मुक्त जाहीर केल्ल्याचोय उल्लेख प्रधानमंत्री मोदीन केलो, हो रोग अथकपणान, विराम नासतना झुजपी लाखांनी लोकांच्या कश्टाचो परिणाम अशें म्हणलें. आणीबाणी विशीं उलयतना प्रधानमंत्री हांणी म्हणलें, भौशीक सहभागाच्या बळग्यान व्हडल्या संकश्टांक तोंड दिवंक मेळटा, तांणी सांगलें, फकत कांय दिसां आदीं देशाचेर आणीबाणी लादपाचीं 50 वर्सां पुराय जालीं आनी देशांतल्या लोकांनी संविधान हात्या दिवस पाळ्ळे अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखेक मनयल्ल्या आंतरराष्ट्रीय योग दीसाचो उल्लेख करतना श्री मोदी हांणी सांगलें, , चडांत चड लोक आपल्या दिसपट्ट्या जिणेंत योग आपणावपाक लागल्यात.

तीर्थयात्रे विशीं उलयतना श्री मोदी हांणी कैलाश मनसरोवर यात्रा, अमरनाथ यात्रा, आनी जगन्नाथ रथ यात्रा हांचे विशीं उल्लेख केलो..श्री मोदी हांणी

सांगलें, आसामांतलो बोडोलँड आयज देशांत नव्या अस्मितायेन उबो रावता. ताणें सांगलें, थंयच्च्या तरणाट्यां कडेन जी उर्जा आनी आत्मविस्वास आसा, तो फुटबॉल मैदानाचेर दिसता.

भारताच्या प्रादेशिक, भाशीक आनी संस्कृतीक विविधतायेचो उल्लेख करून श्री मोदी हांणी कला, हस्तकला आनी कुशळटाय हांचीय विविधताय देशाची एक व्हड गूण आसा अशें म्हण्टा, संवसारांत अशा उत्पादनांची मागणी नेटान वाडत आसा अशें प्रधानमंत्र्यान नदरेक हाडलें.

राज्यपाल

राज्यपाल पी.एस श्रीधरन पिल्लय हांच्या मार्गदर्शनाखाला आनी गोंय सरकार आनी goa street providence ह्या बिगर सरकारी संघटनेच्या जोडपालवान गरजु मनशांक दोन वेळ जेवण दीवपी राजभवन अन्नदान येवजण आयज चालीक लायल्या. हे शिवाय कीडणी डायलेसीस आनी केन्सराचे दुयेतींक मजत म्हण राज्यपाल पीं एस श्रीधरन पिल्लय हांणी 25 हजार प्रत्येकी इतकी अर्थिक मजत दीवपी धनादेश दीले.

गरजुंक अन्नदान करपी देशातले गोंय हे पयले राजभवन आसतले अशे ह्यावेळार कार्यावळीचे मानाचे सोयरे आनी केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी म्हळा.राज्यपाल पी.एस श्रीधरन पिल्लय हे मनीसपणातल्यान गोंयकाचे वेगवगळे प्रस्न सुटावे करीत आसा,तांचेमदी समाजाची उदरगत करपाची तळमळ आसा.गोयचे राजभवन फकत राजभवन न्ही जाल्यार लोकभवन जाला अशे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी म्हणला.

गोंयचे राज्यपाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हांचे समाजात घडपी बाबीचेंर , तशेचं संस्कृताय आनी लोकजीणेचेर खोलायेन अभ्यास करुन केल्ले लेक आता. गोंयच्या बाबतीन तांणी बरयिल्ली पुस्तक फुडल्य पिळगेक मार्गदर्शन करपाक

महत्वाची थारतली अशे ह्यावेळरा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.जाल्यार आपणे बरयिल्लया पुस्तकातल्यान जी रोयल्टी मेळटा तातुल्यान आपणे अन्नदान ही येवजण चालीक लायल्या अशी म्हायती गोंयचे राज्यपाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हांणी दिल्या.तशेचं राज्यपाल निधीतल्यान किडणी डायलेसीस आनी केन्सराच्य दुयेतींक अर्थिक मजत दिल्या अशी म्हायती तांणी ह्यावेळार दिली.

## मुखेलमंत्री

गोंयांत पयली किडनीचो डायलेसिसचो दुयेती क्वचितच आसताली , मात आत ह्या दुयेसांचे प्रमाण वाडला. हे फांटभुयेर प्रत्यकांनी आपल्या भलायकीची कुयदात घेवप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.सरकार डायलेसिस उपचार विनाशुल्क दिता. गोडे मुताचे दुयेस आशिल्यानी कीडीणी बरी दवरपाक जाय जाल्यार खास करुन आहाराचे पथ्य पाळचे, गोंयात केन्सराचे दुयेती लेगीत वाडटा शे दिसुन आयला. आयुर्वेदा उपचार पद्दती घेवन तशेंच दिनचर्या आनी ऋतुचर्या पाळुन संतुलिस जीवनशैली आनी योग्य हार घेत जाल्यार कॅन्सरासारखे दुयेसाचेर लेगीत मात जावपाक शकता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. ते पणजे अका शासकीय कार्यावळीत उलयताले.जाल्यार SURVICAL CANCERचे दुयेस जावचे न्ही म्हण गोंयांतल्या वयात येवपी चलयांक HPV वाशिन दिवपाची मोहिम सरकारान चालीक लावची अशी सुचोवणी ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले केरळाचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांमी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांका केला.

## भू-नोंदणी खात्यांत भरती

भू-नोंदणी खात्यात तरेकवार 40 पदां खातीर भरती जातली. तातूंतली 20 पदां फिल्ड सर्वेयर आनी 20 पदां एमटीएस पदां खातीर आसात. सगळी पदां

एनएकेएसएचए प्रकल्पा खाला फकत 4 म्हयन्यांच्या कंत्राटी तत्त्वाचेर भरतले. ह्या पदां खातीर मुलाखती 15 जुलयाक सकाळीं 10.30 वरांचेर पणजेच्या खात्याच्या मुखेल कार्यालयांत जातल्यो, अशे खात्यान कळीत केला. फिल्ड सर्वेयर पदाचेर म्हयन्याक 32 हजार रुपया पगार दितले. एमटीएस पदा खातीर धावी वा समतुल्य शिक्षण पुराय केल्लें आसप गरजेचें. उमेदवाराक कोंकणी आनी मराठी भाशेचें गिन्यान आसपाक जाय. सगळया पदांखातीर पिराय मर्यादा 45 वर्सां आसा

रवीन्द्र भवना

.आशाढी एकादशी निमतान मडगावच्या रवीन्द्र भवनात 'बोलावा विठ्ठल' कार्यावळ

मडगाव: फुडल्या सप्तकात ६ जुलय ह्या दिसा आशाढी एकादसीची परब मनोवपाचे असून त्यानिमतान मडगावच्या रवीन्द्र भवनान 'बोलावा विठ्ठल' ही अभंग आनी भक्तीगीतांची कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ल्हान वयातच संगीत क्षेत्रात नामना मेळोवपी युवा गायक राजयोग धुरी आनी गोंयच्यो गायिका अर्चना कामुलकार हांच्या गायनाची कार्यावळ त्या निमतान घडोवन हाडल्या अशी म्हायती रवीन्द्र भवनचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी आयज दिली.

६ जुलय दिसा सांजवेळा ५ वरांसावन ही कार्यावळ चालू जातली अशें तालक हांणी सांगलें. ह्या वेळार रवीन्द्र भवनाचे उपाध्यक्ष मनोहर बोरकार आनी वांगडी सचिव दीपाली नाईक हे हाजीर आशिल्ले. ह्या गायकांक रुद्रांक्ष वझे, दत्तराज म्हाळशी, केदार धामस्कार आनी गाेविंद गवठणकार हे संगीताचेर साथ दितले. ह्या कार्यावळीउपरांत खास फराळाची तजवीज केल्या अशी म्हायती तांणी दिली.

राजयोग धुरी हो पं. अजित कडकडे आनी मैथिली पानसे जोशी हांचो शिष्य आसून पिरायेच्या १६व्या वर्साच ताणे संगीताच्या मळार आपले नाव तयार केला. दुसऱ्यो गायिका अर्चना कामुलकार ह्यो सर्गेस्त पं. नाना शिरगांवकार हांची नात आसून तांणी संगीताच्या मळार आपली खाशेली सुवात निर्माण केल्या. ह्या कार्यावळीचे निरुपण डॉ. गोविंद भगत हे करतले.

## चिखलकालो महोत्सव

अंदु चिखलकालो महोत्सव 5ते 7 जुले ह्य काळात माशेल देवकी कृस्ण देवळा सामकारच्य वाठारात आयोजित केला शे गोंय पर्यटन खात्यान कळीत केला.

उमेदीन आनी आध्यात्मिक उमेदीन मनयतात तो चिखल कालो गोंयचे परंपरेंत खोलायेन रुजला. ह्या चिखकाल्यात जात कात, धर्म विसरुन सगळे एकचारान वाटो घेतात. चिखवकाल्यातल्यान समाजान इस्टागतीन आनी एकचारान रावपाचो संदेश देव श्रीकृस्ण आनी आपल्या लीलेतल्यान पंरपरागत रचुम दवरला अशे आदिपासुन चिखलकालो खेळपी तळावे जाण्ये सागंतात.

5 जुलय (दशमी) च्या शुभमुर्तांचेर सुरु जावपी ह्या चिखलकाल्याच्य निमचतान गोंय पर्यटन खात्यान गोंयचे पारंपारीक शाकाहारी पदार्थ दाखोवपी रांदपाचे सर्तीचे आयोजन केला. ताचे उपरांत ‘नाचू कीर्तनाचे रंगी’, हो भक्तीपूर्ण संगीत कार्यक्रम, आनी ‘विठ्ठलवारी’ चें ह्या कार्यावळीचे आयोजन चिखलकाल्यादरम्यान सादरीकरण जातलें.